भुरग्याक पवित्र पुस्तक
सादर करपी

# अब्राहामाक देवाचें उतर



बरोवपी. :- Edward Hughes

समजावपी :- Byron Unger; Lazarus
Alastair Paterson

बानून घेवपी :- M. Maillot; Tammy S.

अनुवाद करपी :- सिप्रियानो गोन्सालवीस

सादर करपी :- Bible for Children
www.M1914.org

©2023 Bible for Children, Inc.
लायसन्स विकीना तो परान कापी करपाची आनी प्रींट करपाचो आधिकार आसा.

देवाच्या भासेन बरोयलेली काणी तुमका उजवाड दितली.



हुंवाराच्या बऱ्याच
काळा उपरांत
धर्तरीवयल्या लोकांनी
एक येवजण आंखली.



“आमी एक व्हडलें शार बांदया, तातूंत सर्गार मेरेन पावतले गोपुर बांदया” अशें तांणी सांगलें. “सदांच एकठांय रावया.” सगळे पृथ्वीचे लोक एक भास उलयताले.



देवाक ताणें तयार केल्ल्या सगळ्या संवसारांत लोक रावचें आसलें. देखून ताणें कितें तरी खाशेलें केलें. अचकीत लोकांचे पंगड वेगळे उलयले. देवान तांकां नवी भास दिली.

एकूच भास उलयताले ते एकठांय पयस गेले. घडये लोकांक समजूंक शकनाशिल्ल्या दुसऱ्यांचो भंय दिसलो. अशे तरेन देवान लोकांक वेगवेगळे देश भरपाक लायले. तांणी सोडून गेल्ल्या शाराक



बाबेल म्हण्टाले, म्हळयार गोंदळ.

वर्सां उपरांत, खाल्दींचो
उर नांवाच्या जाग्यार
देव अब्राम नांवाच्या
मनशा कडेन उलयलो.
“हो देश सोडून वच”
देवान आज्ञा केली.
“हांव तुका दाखयतलों
त्या जाग्यार वच.”



अब्रामान पाळ्ळें. देवान ताका कनानांत व्हेलो. ताची
बायल सारा आनी भाचो लोट ताचे वांगडा गेले.



कनानांत अब्राम आनी लोट दोगूय गिरेस्त जाले. तांकां गोरवांचे व्हडले कळप आशिल्ले. इतल्या जनावरांक फावो ती चरोवपाची सुवात नाशिल्ली.



लोटाच्या कळप्यां आनी अब्रामाच्या कळप्यां कडेन झगडीं जालीं. “कोणाक त्रास जावचो न्हय” अब्रामान सांगलें. “आमी वेगळे जावया. लोट, तुका जाय आशिल्ले जमनीची पयली निवड घे.”



लोटान शारां आनी गांवांनी बिंदूबिंदू आशिल्लें व्हडलें तणाचें मळ वेंचून काडलें. बरें दिसतालें. पूण शारां खूब वायट सुवाती आशिल्यो.




लोट गेले उपरांत देव परतून अब्रामा कडेन उलयलो. “हांव कनानाचो सगळो देश तुका आनी तुज्या भुरग्यांक सदांकाळ दितां.” अब्राम आनी साराय हांकां भुरगीं नाशिल्लीं.
देव आपलें व्हडलें उतर कशें पाळूंक शकतालो?



देवा कडल्यान
तीन मनीस अब्राम आनी सराय कडेन
आयले. “तुका बेगीन भुरगें जातलें” तांणी म्हणलें. सराय
हांसली. देवाच्या संदेशाचेर तिका विस्वास नाशिल्लो.



तिची पिराय
णव्वद वर्सां आशिल्ली. देवान अब्रामाक
सांगलें की आतां ताका अब्राहम (बऱ्याच जाणांचो बापूय)
म्हणटले आनी साराय सारा (राजकन्या) म्हणटले.


देवान अब्राहामाक सांगलें की तो सदोम आनी गमोरा ह्या दोन वायट शारांचो नाश करतलो. अब्राहामाचो भाचो लोट आपल्या घराण्यासयत सदोमांत रावतालो.

देवाची शिटकावणी
आयली तेन्ना लोटान
ताचेर विस्वास दवरलो,
पूण ताच्या धुवांच्या
घोवांनी सदोम सोडून
वचपाक न्हयकार
दिलो. कितलें दुख्खाचें!
तांणी देवाच्या
उतराचेर विस्वास
दवरलो ना.



फकत लोट आनी ताच्यो दोन
धुवो सुरक्षीत सुवातेर
पावल्यो. दुश्ट शारां वयल्यान
उजो आनी गंधक पडलो.




दुख्खाची गजाल म्हळयार लोटाचे
बायलेन देवाची शिटकावणी मोडली
आनी धांवतना फाटीं पळयले. ती
मीठाच्या खांब्यांत
रुपांतरीत जाली.

अब्राहम आनी
सारा हांकां दिल्लें
उतर सर्वेस्परान
पाळ्ळें. देवान
सांगिल्ले प्रमाणे
तांकां जाण्टेपणांत
भुरगें जालें.
इसहाक जल्मलो
तेन्ना तीं कितले
खोशी जाली!




घडये अब्राहामान
आपल्याक आनी आपल्या
भुरग्यांक कनान देश
सदांकाळ दिवपाचें देवान
दिल्ल्या उतराचोय
विचार केलो आसतलो.
देव तें
उतर
पाळटालो.
देव सदांच
आपलीं उतरां पाळटा.

# अब्राहामाक देवाचें उतर

देवाच्या उतरांतली, पोवित्र पुस्तोकांतली एक काणी,

आमका मेल्टा

उत्पत्ती ११-२१

“तुज्या उतराचो प्रवेश उजवाड दिता”
स्तोत्र 119:130


शेवट

हे पवित्र बायबल पुस्तक आमका आजापाचो सुंदर काणीयो सांगता देवाचे जाणे आमका रचल्यात ताका आमका जाणा जावपाक जाय.

देव जाणा आनी जायते वायट करतात ताका आमी पातक म्हणटाट. पातकाक मरण ही शिक्षा, पुण देव आमचो इतको मोग करता ताणे आपल्या एकल्या पुताक धाडलो. जेजु खुरसार मेलो, जेजु परत जिवंत जालो आनी सर्गार चडलो. तु तर देवाचेर विशवास दवरता ता`तुजी पातका भगझितली. तो तुमचे सागात रावतालो आनी तुमी ताच्या वागडा सदा काळ.

हे रातभर तुमी सनमानतात जाल्याक देवाक म्हणात मोगाळा जेजु हात सनमानता तु देव आनी आत तु म्हज्या पातका पासान मेलो आनी तु आता जियंत तु म्हज्या जिवितान यो आनी म्हजी पातका भोगस आनी म्हाका नवे जिवित दि हावे सदाच माग दिवपाक तुजे भुरगे कशे.

पवित्र पुस्तक वाचात आनी दर दिसा देवा कडेन उलयात! जुांव 3:16